**राज्यपालाकडल्यान ईद ई मिलाद निमतान परबीं**

ता. 4 सप्टेंबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम भाव-भयणांक ईद ई मिलाद वा मिलाद ऊन नबी सणाच्या शुभ प्रसंगार मनाकाळजा सावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, हो पवित्र दीस महम्मद पैगम्बराचो जल्म दीस आसा, जांची जीण करूणा, न्याय, नम्रताय आनी दयेची सदाकाळ देख जावन आसा. महम्मद पैगम्बराचो जल्म मक्का ह्या पवित्र शारांत जालो. इस्लामी इतिहासात तांका एक व्हड आनी अदीक प्रभावशाली व्यक्तिमत्व मानतात. तांणी लोकांक प्रामाणिकपण, दया, न्याय आनी नम्रतायेन जगपाची शिकवण दिली.

राज्यपालान ईद ई मिलादच्या ह्या खुशालकायेच्या प्रसंगार लोकांक महम्मद पैगम्बरान शिकयिल्ल्या ईश्वरी मुल्यांकडेन स्वता पुर्नसमर्पित जावपाचो उलो मारला. आमी न्हय फकत प्रार्थना आनी धार्मिक विधिवरवीं, जाल्यार आपल्या कृतीतले दयाळूपण, आमच्या वेव्हारातले प्रामाणिकपण आनी सगळ्या मानवतेप्रती आमच्या काळजात मोग दवरून आमी आमच्या दिसपट्टे जीणेत तांच्या शिकवणीचे आचरण करपाचो यत्न करूया. ईद ई मिलाद सण प्रत्येकाच्या जीणेत अदीक शांतीकाय आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/724

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.